**घुंवळी वखदां सेवन  आनी बेकायदेशीर तस्करीविरोधी दीस मनयलो**

ता. 24  जून  2022

गोंय मनीसबळ विकास म्हामंडळान आयज "जीणेक हय आनी घुंवळी वखदांक ना म्हणात" ह्या संकल्पनेसयत घुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर तस्करीविरोधी दीस मनयलो. पर्वरी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात घुंवळी वखदांमुक्त संवसाराखातीर कारवाय मजबूत करपाचो आनी एकामेकाच्या सहकार्यान काम करपाचो संकल्प केलो.

पुलीस म्हासंचालक श्री. जसपाल सिंग हे ह्या कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे आशिल्लें. तांणी आपल्या उलोवपात धुंवळी वखदां सेवन आनी बेकायदेशीर तस्करीविरोधी आंतरराष्ट्रीय दीस मनोवपा फाटलो उद्देश सांगतना धुंवळी वखदांचे सेवन आनी वेपार ही समाजातली एक वायट गजाल आशिल्ल्याचे सांगलें. समाजान आनी खास करून तरणाट्यांनी एकटाय येवन धुंवळी वखदांचो वेव्हारआनी वेपारआड लढो दिवन समाज घुंवळी वखदांमुक्त करपाची गरज तांणी उक्तायली. तशेंच तांणी धुंवळी वखदांच्या सेवनातल्यान समाजाचेर जावपी वायट परिणांमाविशी जागृताय करपाचीय गरज उक्तायली. लोकांमदी धुंवळी वखदांच्या वायट परिणांमाविशी जागृताय करपा खातीर थेटर, समुपदेशन आनी हेर माध्यमाचो उपेग करचो, अशेंय तांणी सांगलें.

समाज धुंवळी वखदांमुक्त करपा खातीर समाजान जागृत रावन अशा वेव्हाराची म्हायती संबंदीत यंत्रणांक दिवची. धुंवळी वखदांच्या सेवनान अनेक लोकांची जीण उध्वस्त जाल्या, अशेंय तांणी सांगलें. धुंवळी वखदांच्या सेवनान जीणेतल्या खंयच्याच समस्येची सुटका जायना. प्रत्येकान धुंवळी वखदांपासून पयस रावन निरोगी जीण जगपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

गोंय मनीसबळ विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. नारायण नावती हांणी आपल्या येवकाराच्या उलोवपात म्हामंडळावतीन कुशळ मनीसबळ तयार करपा खातीर आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार उपस्थितांक धुंवळी वखदां विरोधी सोपूत दिलो. जॉन आगियार हांणी मानेस्तांची वळख करून दिली. अखिल शेटकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/439

--

Issued by
Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji